**Goa Staff Selection Commission**
6th Floor, 3rd Lift, SPACES Building, Patto Plaza, Panaji-Goa – 403001
Website: gssc.goa.gov.in

No.1/2/2024-GSSC/ Dated: /03/2024

# वारंवार विचारिल्ले प्रस्न

1) पदां खातीर जायरात केन्ना जारी करतात?

जाप: नेमणूक प्राधिकारिणी कडल्यान मेळिल्ले आवश्यकताये प्रमाणें आनी आयोगाच्या निर्णयाचेर वेगवेगळ्या पदां खातीर जायरात जारी करतात.

2) म्हाका पदां खातीर गरजेची पात्रताय खंय मेळूं येता?

जाप: आयोगाच्या संकेतथळार उजवाडाक आयिल्ले जायरातींत गरजेची पात्रताय नमूद केल्या.

3) म्हाका वेगवेगळ्या पदांच्या परिक्षे खातीरचो अभ्यासक्रम खंय मेळटलो?

जाप: दरेका पदाचो अभ्यासक्रम संकेतथळार जायराती वांगडा उजवाडाक येता आनी तो "**अभ्याक्रम टॅब**" अंतर्गत उपलब्ध आसा.

4) आमी ऑफलायन पद्दतीन पदा खातीर अर्ज करूंक शकतात?

जाप: ना, जायरातींत उजवाडाक आयिल्ल्या काळांत आयोगा वरवीं फकत ऑनलायन अर्जांचो विचार जातलो.

5) हेर संस्थांच्या परिक्षेंची आनी आयोगाच्या परिक्षेंची तारीख एकूच आसल्यार आयोग ती तारीख बदलपाची विनंती मानून घेतलो?

जाप: हेर खंयच्याय संस्थेच्या परिक्षेची आनी आयोगाच्या परिक्षेची तारीख एकूच आसल्यार ती तारीख बदलपाची कसलीच विनंती आयोग मानून घेवचो ना. तशेंच आयोग खंयच्याय कारणाक लागून परिक्षा केंद्र आनी/वा परिक्षा बदलपाची आदी विनंती मानून घेवचो ना.

6) आयोगाक विनंती/मेल/पत्रा वरवीं कळयले जाल्यार आयोग अर्जांत बदल करूंक शकता?

जाप: ना.

7) आयोगान जायरात केल्ल्या पदाचेर अर्ज करपा खातीर नोंदणी सक्तीची आसा?

जाप: हय, आयोगा कडेन एकदां नोंदणी करप ही सक्तीची पुर्व अट आसा. एकदां नोंदणी पुराय जाले उपरांत अर्जदार आयोगा वरवीं जायरात केल्ल्या खंयच्याय पदा खातीर ऑनलायन अर्ज करूंक शकतात.

8) हांव समान लॉगीन वयल्यान पदा खातीर दोन फावट अर्ज करूंक शकता?

जाप: ना.

9) अर्जदारान दर वेळार परिक्षेक अर्ज करचे पयलीं नोंदणी करपाक जाय?

जाप: ना, अर्जदारान एकदां नोंदणी केली जाल्यार, आयोगा वरवीं घेतिल्ल्या वेगवेगळ्या परिक्षांनी अर्ज करपा खातीर तिका/ताका समान' वापरकर्तो नांव' आनी 'पासवर्ड' वापरचो पडटलो.

10) एक फावट नोंदणी करपाची प्रक्रिया कितें ?

जाप: एक फावट नोंदणी करपा खातीर, https://gssc.goa.gov.in/ हांगा भेट दिवची, 'नोकर भरती' (RECRUITMENT) टॅबाचेर क्लिक करून, अर्जदार निवडात 'उपरांत हांगा अर्ज करात हाचेर क्लिक करात. गोंय सरकाराच्या म्हायती तंत्रगिन्यान, इलेक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण खात्यान विकसीत केल्ल्या https://cbes.goa.gov.in/landing ह्या संकेतथळाचेर तुमकां पुनर्निर्देशित (redirected) करतले. उपरांत नोंदणी टॅबाचेर क्लिक करात.

11) पदा खातीर अर्ज करतना हांव म्हजो फोटो आनी सय अपलोड करूंक शकना.

जाप:उपकार करून फायल 1 एमबी परस उणी आसा काय ना आनी फकत जेपीईजी (jpeg) वा जेपीजी (jpg) फॉर्मेटांत आसा काय ना तें तपासात.

12) नव्या नोंदणी खातीर म्हाका ईमेलाचेर ओटीपी मेळ्ळो ना.

जापः ई–मेल ओटीपी खातीर, तुमी तुमच्या ई–मेलांतलो 'Spam' फोल्डर तपासपाक शकतात. Spam फोल्डरांत लेगीत ओटीपी मेळना जाल्यार, तुमी चुकीची ईमेल–आयडी घातल्या वा नेटवर्काची समस्या आसूं येता. ओटीपीची समस्या चालू उरल्यार तुमी हॅल्पलायन संपर्क क्रमांकाचेर संपर्क करूंक शकता वा दिल्ले ईमेल आयडीचेर ईमेल करूंक शकतात.

13) जर अर्जदार पासवर्ड विसरलो जाल्यार तर तो परत कसो मेळोवचो?

जाप: फॉर्गोट पासवर्ड टॅबाचेर क्लिक करात, स्क्रीनीचेर दाखयल्ले वापरकर्त्याचें नांव आनी कॅप्चा प्रविश्ट करून चालूचेर क्लिक करात. तुमचो पासवर्ड परत रिसेट करपाचे लिंक तुमच्या नोंदणीकृत ई–मेलाचेर धाडटले.

14) वेगवेगळ्या पदां खातीर ऑनलायन फॉर्म भरता आसतना उप्राशिल्ले प्रस्न मांडपाक आयोगाचो हॅल्पलायन क्रमांक आनी ईमेल आयडी कितें ?

जाप: संपर्क क्र. 8530499686 चेर संपर्क सादचो वा कितेंय प्रस्न आसल्यार goacbes-support@gov.in चेर मेल करात.

15) आयोगा वरवीं जायरात केल्ल्या खंयच्याय पदा खातीर अर्ज कसो करचो?

जाप: उपकार करून गोंय कर्मचारी निवड आयोगाच्या संकेतथळार अपलोड केल्ली वापरकर्तो पुस्तिका आनी अर्जदारांक दिल्ल्यो सुचोवण्यो पळयात.

16) अर्जा वांगडा कितलें शुल्क फारीक करचे लागतले?

जाप:

| श्रेणी | शुल्क (रुपयांत) | |
|---|---|---|
| | सीसीएस सुदारीत वेतन नेम 2016चो टप्पो 1 ते 3 | सीसीएस सुदारीत वेतन नेम 2016 चो टप्पो 4 आनी ताचे वयर |
| अन–आरक्षीत (यूआर) | 200 | 400 |
| एससी, एसटी | 50 | 100 |

| | | |
|---|---|---|
| ओबीसी | 100 | 200 |
| दिव्यांग (पीडब्ल्यूडी) | 50 | 100 |
| ईडब्ल्यूएस | 100 | 200 |

*एससी, एसटी, ओबीसी, दिव्यांग आनी ईडब्ल्यूएस खातीर वयर दिल्ले शुल्क अर्जदारांक फकत विशिश्ट श्रेणी खातीरच्या पदाची जायरात

17) अर्जाची फारीकणी कशी करची?

जाप: ऑनलायन अर्ज फॉर्म भरल्या उपरांत, फकत युपीआय वा नेट बँकींगां वरवीं वा क्रेडीट वा डेबिट कार्ड वरवीं फकत ऑनलायन शुल्क फारीक करूं येता.

18) हांव ऑफलायन शुल्क भरपाक शकता?

जाप: ना.

19) ऑनलायन फारीकणी केल्या उपरांत अर्जाची स्थिती अपूर्ण दाखयता वा अर्ज डावनलोड जायना जालल्यार कितें करचें?

जाप: समस्ये खातीर 8530499686 ह्या हॅल्पलायन क्रमांकाचेर वा goacbes-support@gov.in ई-मेल आयडीचेर संपर्क सादचो.

20) निमाणे अर्ज सादर केल्या उपरांत पदा खातीर अर्जातल्या खंयच्याय तपशीलांत बदल करपाक परवानगी आसा काय?

जाप: ना, एकदां ऑनलायन अर्ज सादर केल्या उपरांत, बदल करपाक मान्यताय ना. अर्जदाराक नवी नोंदणी तयार करून नव्यान अर्ज करचो पडटलो.

21) पात्रताय, पिराय मर्यादा, अणभव आनी हेर खंयच्याय कागदपत्रां खातीर पात्रताय निकश थारावपा खातीर निमाणी तारीख कितें आसतली ?

जापः शिक्षणीक पात्रताय, पिराय मर्यादा, अणभव आनी हेर खंयच्याय कागदपत्रां खातीर पात्रताय निकश थारावपाची निमाणी तारीख अर्जाच्या निमाण्या तारखे प्रमाणें आसतली.

22) वेगवेगळ्या श्रेणींतल्या अर्जदारां खातीर पिरायेची कितली सवलत उपलब्ध आसा?

जाप: उपकार करून http://gssc.goa.gov.in/ संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो अर्जदाराक दिल्ल्यो सुचोवण्यो वाचात (परिच्छेद 5चो संदर्भ घेयात).

23) जीएसएससीन घेतिल्ले परिक्षेंत नकारात्मक मार्किंग आसा व्हय?

जाप: आयोगा वरवीं घेतिल्ले परिक्षे खातीर निगेटिव्ह मार्किंग ना.

24) जर ताचो/ तिचो फोन क्रमांक/ई-मेल आयडी कार्यरत ना जाल्यार ताचो संपर्क क्रमांक वा ई-मेल आयडी कसो बदलचो?

जाप: उपकार करून, वापरकर्त्या खातीर बदलपाचो संपर्क क्रमांक आनी ई-मेल आयडी जीएसएससीच्या us.gssc@goa.gov.in. ई-मेल आयडीचेर ई-मेल करचो.

25) जर म्हाका लॉगीन समस्या आसली जाल्यार, कितें करचें?

उत्तरः हॅल्पलायन क्रमांक 8530499686 वा goacbes-support@gov.in च्या ई-मेल आयडीचेर संपर्क सादचो.

26) सरकारी कर्मचाऱ्यांक रोजगार नोंदणी क्रमांक भरप आवश्यक आसा?

जाप: हय, सेवे पयलीं रोजगार नोंदणी क्रमांक सद्या फकत प्रविश्ट करूंक शकता.

27) दोन फावटीं पयशें फारीक केल्यार हांवेन कितें करचें?

जाप: उपकार करून हॅल्पलायन क्रमांक/ई-मेल आयडीचेर संपर्क सादचो आनी/वा ई-मेल करचो आनी तपशील दिवचो.

28) अर्जदार म्हूण अर्ज करपी सरकारी कर्मचाऱ्या कडेन वैध आशिल्लो राबितो दाखलो आसप गरजेचें आसा?

जाप:हय, वैध आशिल्ले राबितो दाखलो आसप गरजेचें आसा.

29) जायरात केल्ल्या पदां खातीर आयोगा वरवीं परिक्षा केन्ना आयोजीत करतले?

जाप: आयोगान जायरात केल्ल्या पदां खातीर परिक्षेची तारीख अर्जदारांक तांच्या संकेतथळा वरवीं आनी थळाव्या दिसाळ्यांचेर मराठी, इंग्लीश आनी कोंकणी भाशेंत नोटीस उजवाडाक हाडून कळयतले.